# पणजी म्हापालिका वाठारांत पे पार्किंग अधिसुचीत

ता. 6 ऑगस्ट 2025

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पणजी म्हापालिका क्षेत्रांत दोनचाकी आनी चारचाकी वाहनांखातीर पे पार्किंग वाठांर अधिसुचीत केल्यात. मिरामार सर्कल हांगा सुलभ शौचालयालागी (मिरामार बीच), मारूती देवळालागी, काकुलो बेट हांगा फार्मासी कॉलेजी लागी, सांतिनेज चर्च ते थॉमस गॅरेजी लागीच्या सांकवामेरेन (महात्मा गांधी मार्ग आनी वासुदेव धेंपो मार्ग), सांतिनेज सिमेंतरी ते मधुबन इमारती लागी हायमास्ट मेरेन, डॉ. दादा वैध मार्ग, डॉ. ब्रागांझा पेरेरा मार्ग (नगरपालिका क्वॉटर्स ते कला अकादमी/ डी. बी. मार्ग) आनी गामा पिंटो मार्ग (नगरपालिका क्वॉटर्स ते हॉटेल पालासियो) हांगा पे पार्किंग जागे अधिसुचीत केल्यात. दोनचाकी वाहनांक चार वरांखातीर 4 रूपया, चार ते बारां वरांखातीर 8 रूपया आनी बारां वरां आनी चोविस वरां परस कमी वेळे खातीर15 रूपया फी आसा. चारचाकी वाहनां खातीर एका वरा खातीर 20 रूपया आनी फुडल्या प्रत्येक वराखातीर 15 रूपया फी आसा.

तशेंच पार्किंग फी घेवपी मनशांनी पणजी म्हापालिकेन सुचयिल्लो युनिफॉर्म घालप, वळखपत्र लागी बाळगूवप आनी पार्किंग फी दरपत्रक बाळगूपाक जाय. पार्किंग फी पावतीचेर पणजी म्हापालिकेचे नाव आसपाक जाय. चारचाकी वाहनांखातीरच्या पार्किंग जागेत दोन एर्मजन्सी वाहनांखातीर जागे दवरपाक जाय. दिव्यांग व्यक्तिंच्या वाहनांखातीर जागे राखीव दवरपाक जाय. तशेंच म्हापालिकेन घालून दिल्ल्या हेर सगळ्यां नेमांक पाळो दिवपाची गरज आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/672

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.